# आदिवासी प्रज्ञावंत पुरस्कारा खातीर अर्ज

ता. 23 एप्रिल 2022

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान कळीत केला की, आदिवासी कल्याण संचालनालयावतीन खेळां मळावयल्या प्रतिश्ठित व्यक्तिंक 25 मे 2022 दिसा राज्य "**आदिवासी प्रज्ञावंत पुरस्कार"** भेटोवपात येतले.

1 एप्रील 2021 ते 31 मार्च 2022 मेरेनच्या काळांत जाल्ल्या राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यावयल्या खेळां सर्तींनी उत्कृश्ट प्रदर्शन केल्ले एसटी समाजातले खेळगडें ह्या पुरस्काराखातीर अर्ज करपाक पात्र आसा. राष्ट्रीय तशेंच आंतरराष्ट्रीय पांवड्यावयल्या खेळां सर्तींक युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयाची मान्यताय आसपाक जाय आनी खेळगड्याक संबंदीत खेळां फेडरेशनान सर्तींत भाग घेवपाक धाडिल्ले आसपाक जाय. पात्र खेळगड्यांनी आपले अर्ज पुराय म्हायती आनी खेळां फेडरेशनान जारी केल्ल्या गुणवत्ता प्रमाणपत्रासयत 29 एप्रील मेरेन सुपूर्द करपाक जाय.

पुरस्काराखातीरचे विहित नमुन्यातले अर्ज खात्याच्या www.dsya.goa.gov.in ह्या वेबसायटीचेर उपलब्ध आसात. चड म्हायती खातीर श्री. दिनेश देसाय, मो. नं. 7038188628, पालवी शारीरिक शिक्षण अधिकारी कांपाल पणजी हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/286

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji